**<u>वायुसेना दिसा निमतान राज्यपालाकडल्यान परबीं</u>**

ता. ०७ ऑक्टोबर २०१९

राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी वायुसेना दिसा निमतान भारतीय वायुसेनेच्या अधिकाऱ्यांक आनी तांच्या कुटुंबीयांक परबीं भेटयल्या. मायभुंयेच्या सेवेखातीर तांचे शौर्य आनी कर्तव्य अप्रतिम आसा आनी तांचे धाडस आनी समर्पित सेवेक लागून आमचे वायुसेना दळ जगातले एक उत्कृश्ट वायुसेना दळ आसा.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, वायुसेना दळ आमच्या राष्ट्रीय सुरक्षेचो एक म्हत्वाचो भाग. आमच्या देशाच्या सुरक्षेखातीर वायुसेना दळाचे अधिकारी आपले कर्तव्य आनी जबाबदारी देशभक्ती, धाडस आनी समर्पितपणान निभायतात.

देशाच्या सीमांचे रक्षण करपा वांगडाच सैमिक आपत्तीच्या वेळार मदत करपाचेय काम आमची सेना दळां करतात. आमच्या मायभुंयेच्या रक्षणाखातीर आनी प्रादेशीक अखंडतेखातीर सुरक्षा दळां खंयच कमी पडनात आनी आमचो देश आनी देशाच्या नागरिकांक तांची निश्ठा, देशभक्ती आनी क्षमतेचेर पुर्ण भरवसो आसा, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/672

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA